# पोटवेंचणूक जावपी ग्रामपंचायत वार्डांतली सोरो विक्री आस्थापनां बंद दवरपाचो आदेश

ता. 15 ऑक्टोबर 2024

दक्षीण गोंयच्या केपे म्हालातल्या मोरपिर्ला ग्रामपंचायतीचो वार्ड-6 आनी साश्ट म्हालातल्या ओर्ली ग्रामपंचायतीचो वार्ड-7 खातीर 20 ऑक्टोबर 2024 दिसा पोटवेंचणूक जावपाची आसून वित्त खात्यान (महसूल आनी नियंत्रण) पोटवेंचणूक जावपी वार्डांतलीं सगळीं सोरो विक्री आस्थापनां, दुकांना, बार्रां ता. 19, 20 आनी 21 ऑक्टोबर 2024 दिसा बंद दवरपाचो आदेश दिला.

तशेंच वयल्या दिसांनी पोटवेंचणूक जावपाची आशिल्ल्या वार्डांनी खंयचीय व्यक्ती आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्या सयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली आनी 650 एमएलच्यो स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाक शकतली वा आपल्या लागी बाळगुपाक शकतली.

बार्र आनी रेस्टोरंट परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले. बार्र काऊंटर बांद दवरचो पडटलो आनी वयल्या दिसांनी सोरो विकपाक मेळचो ना.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/574

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.